Panaji

24 July 2026 Regional News 7.20PM

PM Fast Track Court

पेपर लीक घडणुके उपरांत फाटल्या अडेज म्हयन्यांत जायतीं पावलां उबारल्यांत अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. गुन्यांवकारांक अटक जाऊन तें  बंदखणींत आसात, हे वांगडाच आता सरकार फास्टट्रॅक कोर्ट सुरु करतालें हे

Aparant Surakshita Bhavan

गोंयात बेगीनुच occupational safety doctor अभ्यासक्रम सुरू करतले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. हो अभ्यासक्रम शिकील्ल्या मनशांक देशांत तशेंच विदेशांत उद्देगीक मळार व्हड मागणी आसा अशे मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.

अपरांन्त सुरक्षिता भवन" ह्या गोंय बाश्पक आनी कारखानो कार्यालयाच्या नुतनीकरण वास्तुचे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज उक्तावण जाले. green open space आशील्ल्या ह्या बिल्डींगेच्या कामाखातीर 13 कोटी रूपया खर्च केल्यात, सौरउर्जा, हवेशीर वातावरण, तशेंच अत्याधुनीक यंत्रणेसयत ही वास्तु सुसज्ज आसा. हेवेळार बाश्पक आनी कारखानो मंत्री निळकंठ हळर्णकार, खात्याचे सचीव संजीव गडकार, मुख्य बाश्पक अधिकारी अनंत पांगम तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

उद्देगां खातीर आता बॉयलरांची ३rd पार्टी तपासणी करपाची प्रक्रिया पुराय जाल्या आनी आतां 48 वरां भितर बॉयलर तपासणी प्रमाणपत्रां जारी करतले, हाका लागून गोंयांत ‘ईज ऑफ डूइंग बिझनेस’ सुदारपाक मजत जातली अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

## Green Olympiad 2026

टेरी म्हळयार 'द एनर्जी ॲण्ड रिसोर्सेस इन्स्टिट्यूट' ह्या संस्थेन आयोजीत केल्ल्या 'ग्रीन ऑलिम्पियाड २०२६' हे पर्यावरण विशया वयले सर्ती खातीरची नोंदणी प्रक्रिया सुरू जाल्या. गोंयच्या राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान गोंयांतल्या सगळ्या सरकारी, सरकारी अनुदानित आनी बिगर-अनुदानित हायस्कूल तशेंच हायर सेकेंडरीच्या मुख्याध्यापकांक पत्र बरोवन तांच्या शाळांतल्या विद्यार्थ्यांक हे सर्तीत वांटो घेवपाविशी कळीत केलां.

ही सर्त पर्यावरण, हवामान बदल, जैवविविधता, ऊर्जा, आनी शाश्वत विकास सारख्या विशयांचेर विद्यार्थ्यां मदीं जागृताय वाडोवपा खातीर आयोजीत केल्ल्या. परीक्षेचे स्वरूप ऑफलायन लेखी आनी बहुपर्यायी प्रस्न अशे आसतले, तशेंच नकारात्मक गुणांकन आसचे ना. विद्यार्थ्यांक इंग्रजी आनी हिंदी वांगडाच मराठी, कोंकणी आनी हेर प्रादेशिक भासांनी परीक्षा दिवपाक मेळटली.

राष्ट्रीय पांवड्यार वयर सरपी विद्यार्थ्यां खातीर १० लाख रुपयां मेरेनचीं रोख इनामां, शाळांच्या टोपरांक मेडल, तशेंच वांटो घेवपी सगळ्या विद्यार्थ्यांक प्रमाणपत्र दितले. हे स्पर्धे खातीर नोंदणीची निमणी तारीख ३१ जुलय २०२६ अशी आसून, परीक्षा ८ ऑक्टोबर २०२६ वा १८ नोव्हेंबर २०२६ या दिसांनी शाळांच्या सोयी प्रमाण घेतले.

## Subhash Shirodkar

अन्दू वर्सा पावस उणो जाला आसलो, तरी गोंयची धरणा आणि हेर सुवातानी पुरो इतलो उदका साठो आसा अशें शिपणावळ मंत्री सुभाष शिरोडकार हाणी सांगलें.

आज मडगावा एके कार्यावळी वेळार प्रसार माध्यमांकडेन उलयतना ताणी ही माहिती दिली. आयज सावन आमी केपेंच्या कुशावती न्हंयंतल्यान उदक उपसपाक सुरू करतात. उदक संसाधन विभागान गोंयांत ४० वेग-वेगळ्या सुवातांनी पावस उदक संवर्धन  प्रकल्प सुरू केल्ले आसात अशें ताणी सांगलें.

फुडाराक आमी ५०० परस चड बांदारे बांदल्यात, ज्या वरवीं उदक मेळपाक मदत जाता, अशी म्हायती  मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी दिल्या. तेच प्रमाण, आमी 'म्हजो फ्लॅट' येवजण तयार

केल्या. येता त्या १५ दिसां भितर आमी हे येवजणे खातीर एक नोडल अधिकारी नेमून हे येवजणेची अमलबजावणी करतले, अशें्य ताणी सांगलें.

## CM Pramod Sawant

फार्मासुटीकल्स, अभियांत्रिकी, लोजिस्टीक, अन्न प्रक्रिया तशेंच हेर मळावेले जागतिक पावंड्यावेले उद्देजग गोंयात तांचे उद्देग सुरु करपाक पयली पंसती दिता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गोंयच्या उद्दगिक मळाक उर्बा दिवपाक ,तशेंच गरजेच्यो सगल्यो मुळाव्यो आनी आधुनिक साधन सुविध  दिवपाक गोंय सरकारान वेगवेगळी पावला उबारल्यात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यांनी दिली, पणजे एक कार्यावळीदरम्यान उलयताले.  (byte CM On Industries)

## Naksha Project

मडगाव, कुंकळी आनी पणजेच्या 'नक्षा' पायलट प्रकल्पांत मालकी वा मूळ जमनीच्या नोंदींत कसलोच बदल जायना, ते पुरायपणान सांबाळून दवरले वतात अशें भूंय संसाधन खात्यान स्पश्ट केलां. 'डिजिटल इंडिया लॅंड रेकॉड्र्स मॉडर्नायझेशन प्रोग्रामा' खाला जीआयएस आनी ड्रोन आदारीत सर्वेक्षणांत शारी जमनीच्या नकाशाची अचूकता वाडोवप, शिमेचे वाद उणे करप आनी शार नियोजनाक आदार दिवप हो हेत आसा. ह्या प्रकल्पांत भौशीक सत्यापन आनी गैरहाजीर जमनीच्या मालकांक सुरक्षा दिवपाचो आस्पाव आसा. मालमत्तेच्या मालकांनी 16 जुलय ते 14 ऑगस्ट मेरेन मारगांवच्या सर्वेक्षण आनी जमीन नोंद निरिक्षकाच्या कार्यालयांत सत्यापना खातीर आपले मालकीचे कागदपत्र सादर करूं येतात.

## FDA Intensifies Food Safety Drive in South Goa

अन्न आनी वखदां प्रशासनान दक्षिण गोंयांत तपासणी मोहीम चड खर केल्या अशें गोंयचे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें, सुरक्षीत आनी नितळ अन्न दिवप हें सरकाराचें प्राधान्य आसा. साष्टीतल्या एका दुध पुरवणदाराक परवानो नासतना काम केल्ल्यान आनी लेबल नाशिल्लो पनीर विकपा खातीर 30 हजार रुपया दंड भरचो पडलो; तशेंच 20 किलो पनीर जप्त करून ताचें नमुनेय ताब्यान घेतल्यात. रुंमडमळात खाद्य दुकानांची तपासणी करून परवानो आनी नितळसाण नेमांकांचे उल्लंघन केल्ल्यान सात आस्थापनांचेर वट्ट 14 हजार रुपया लादल्यात.

## Congress on Formula

मोपाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार जावपी खाजगी 'फॉर्मूला 4' सर्ती खातीर गोंय सरकाराच्या 2 कोटी रुपयांचें वीज शुल्क माफ करपाच्या निर्णयाचेर गोंय प्रदेश काँग्रेस समितीचे कार्याध्यक्ष सुनील कवठणकार हांणी टिका केल्या. खाजगी कार्यावळीच्या फायद्या खातीर भौशीक साधनांचो वापर करचो न्हय असो आरोप करून काँग्रेसीन ह्या निर्णयाचेर प्रस्नचिन्न उबें केलां.

## Viresh Borkar

रिव्होल्युशनरी गोअन्स पक्षाचे आमदार विरेश बोरकार हांणी आयज डोंगरे 'गोली बाबा देवस्थानाची' सोबीतकाय करपा खातीर बुन्याद घाली. ह्या कार्यक्रमाक जिल्लो पंचायत वांगडी श्रीमती तृप्ती बाकल, गांवचे ज्येश्ठ नागरिक, देवूळ समितीचे वांगडी, भक्त आनी थळावे लोक व्हड प्रमाणांत हाजीर आशिल्ले. सभेक संबोधीत करतना आमदार विरेश बोरकार हांणी म्हणलें, गोंयच्या सांस्कृतीक आनी आध्यात्मिक दायजाचो एक अभिन्न भाग म्हळयार पुजास्थानां. मतदारसंघाची परंपरा तिगोवन दवरपा वांगडाच समाजीक मुळाव्या साधनसुविधांचो विकास करपी उपक्रमांक आदार दिवपाक आपलें कार्यालय कटिबद्ध आसा अशें तांणी आश्वासनूय दिलें.

## Weather

गोंय हवामान केंद्रान 24 आनी 25 जुलयाक उत्तर आनी दक्षिण गोंया खातीर  यलो अलर्ट  जारी केला. ह्या काळांत कांय सुवातींनी व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा आनी तेच बरोबर 40 ते 50 किमी वेगानं वारे येवपाची शक्यताय आसा. 24 ते 30 जुलय ह्या काळांत राज्यांतल्या चडशा सुवातींनी मध्यम पावस पडपाचो अदमास आसून चड पावस आनी खर वारें येवपाच्या काळांत नागरिकांनी गरजेची जतनाय घेवप आनी गरजे भायर प्रवास टाळचें अशें हवामान खात्यान आवाहन केलां.

## Sports

स्कॉटलंडांतल्या ग्लासगो शारांत 23व्या कॉमनवेल्थ गेम्स ह्या सर्तीची सुरवात एका अदभूत उक्तावण सुवाळयान जाली, जाल्यार दुसरीकडेन दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल हरारे हांगा जाल्ल्या तीन मॅचींच्या मालिकेन पयल्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान झिंबाब्वेक सात विकेटींनी हारयलो.